आकाशवाणी पणजेच्या
राष्ट्रीय खबरो

**Date : 08/03/2026** **6.30 PM**

आयज नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकी सुमार 33 हजार 500 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून बुन्यादी फातर बसयले. ह्या वेळार राष्ट्रीय राजधानींतली सुविधा आनी मुळावी बांदावळ घटमूटकरता आणि वाढयतात अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. आयज सुरू केल्ल्या प्रकल्पांक लागून मुळावी बांदावळ घटमूट जातली, जोडणी सुदारतली आनी शारांतल्या लोकांची सुलाभताय वाडटली अशें तांणी सांगलें. आयज सुरू जाल्ल्या नव्या मेट्रो विभागाक लागून राजधानींतल्या लाखांनी लोकांक म्हत्वाचो फायदो जातलो अशें म्हणला

राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांच्या भेटी वेळार प्रोटोकॉल सांबाळूंक नाशिल्ल्यान आनी काल राज्यांत जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय संताल परिशदेची सुवात अचकीत बदलिल्ल्यान अस्तंत बंगालांतल्या टीएमसी सरकाराचेर भाजपान टिका केल्या.

बायलांक संद आनी आदार दिलो जाल्यार तांकां दरेका मळार उत्कृश्टताय मेळूंक शकता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणला उद्देजकताय आसूं वा कॉर्पोरेट जग आसूं, सगळ्या मळार बायलांनी फुडाकार घेतला. भारत बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगती कडेन नेटान वता आनी कामगार बळग्यांत बायलांचो वांटो वाडला. बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ, पीएम मुद्रा येवजण, मिशन शक्ती ह्या येवजण्यांनी बायलांचें सशक्तीकरण जालां अशें आयज नवी दिल्लींत आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या उत्सवांत उलायताना राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी उक्तायले

अस्तंत आशियांत झुज सुरू जाल्ल्यान 1 मार्च ते 7 मार्च ह्या काळांत आखाती वाठारांतल्यान 52 हजारांपरस चड भारतीय नागरिकांक सुरक्षीतपणान भारतांत हाडल्यात अशें विदेश मंत्रालयान सांगलां. फाटल्या कांय दिसांनी पुराय प्रदेशांत हवाई क्षेत्र आंशिकपणान उक्तो जाल्ल्यान नियोजीत आनी नियोजीत नाशिल्लीं दोनूय विमानां सुरू जाल्यांत, जाका लागून आडखून पडपी प्रवाशांक परत येवपाक सोंपें जालां. अस्तंत आशिया आनी आखाती वाठारांतल्या घडामोडींचेर भारत सरकार सतत नदर दवरून आसा, फुडल्या दिसांनी आनीक विमान सेवांची येवजण जातली, जाका लागून आडखून पडील्ल्या लोकांक सुरक्षीतपणान घरा परतपाक मेळटलें अशें एमईएचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें

पंजाबाचे अर्थमंत्री हरपाल सिंग चीमा हांणी आयज दोन लाख साठ हजार चारशे सात्तीस कोटी रुपयांचे वाटप आशिल्लो राज्याचो 2026-27 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर केलो.

2026-27 वर्साची वट्ट येणावळ एक लाख सोव्वीस हजार एकशे नव्वद कोटी रुपया असो अदमास आसा. आयज आंतरराष्ट्रीय बायलां दिस या दिसा अर्थसंकल्प सादर करतना अर्थमंत्र्यान 'मुख मंत्रि मावन धियाण सतीकार येवजण' जाहीर केली, जाचे खाला पात्र बायलांक म्हयन्याक हजार रुपया मजत मेळटली. राज्यांतल्या सुमार 97 टक्के बायलांचो सध्याच्या पात्रताय निकशा खाला आस्पाव जातलो अशे ताणी म्हणला.

**आयसीसी दाद्ल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वकरंड सर्तींत आयज अहमदाबादाच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं सामनो जातलो. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.**

**विक्रमी तिसरें खिताब जिखपाच्या हेतान आशिल्ल्यान टी-20 विश्वचषकाच्या फायनलींत भारतीय पंगडाचो हो चवथो खेळ आसतलो.**

भारतिय हवामान खात्यान ह्या म्हयन्याचे 13 तारीख मेरेन जम्मू-काश्मीर आनी उत्तराखंडाचेर हलको पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फाल्यां मेरेन दर्यादिगेवेल्या आंध्र प्रदेश, केरळ आनी माहेचेर वीज पडपा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायल्या.
इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.

आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर.